**15 सप्टेंबराक हिंदी दिसानिमतान हिंदी सृजनोत्सव कार्यावळ**

ता. 13 सप्टेंबर 2023

दर वर्सा प्रमाण 15 सप्टेंबराक हिंदी दिसानिमतान मिनेझिस ब्रागांझा संस्थेन "हिंदी सृजनोत्सव 2023" चे आयोजन केला. कार्यावळीक सकाळी 9.30 वरांचेर सुरवात जातली. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकीं हिंदी सृजनोत्सवाचे उक्तावण जातले. कार्यावळीक हिंदी साहित्य क्षेत्रातल्यो नामनेच्यो कादंबरीकार आनी साहित्य अकादमी पुरस्कार जैतिवंत श्रीमती अलका सरोगी ह्यो मुखेल सोयरी आनी उलोवपी आसतल्यो. नामनेच्यो लेखिका श्रीमती जयश्री हरमलकर, संस्थेचे अध्यक्ष श्री दशरथ परब, वांगडी सचीव श्री मिलिंद माटे, कला आनी संस्कृती संचालक श्री सगुण वेळीप आनी हेर मानेस्त कार्यावळीक उपस्थित आसतले.

हिंदी दिसानिमतान संस्थेन गोंयच्या म्हाविद्यालयीन विद्यार्थ्यांखातीर भजन गायन, कविता सादरीकरण, निबंध लेखन, वक्तृत्व, स्कॅच मेकिंग, डिक्टेशन अशां तरेकवार सर्तींचे आयोजन केला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/724

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.